**गोंय लोक सेवा आयोग**

ईडीसी हावस, ब्लॉक 'सी',1लो मजलो, दादा वैद्य रोड, पणजी, गोंय – 403001.

संकेतथळः http://gpsc.goa.gov.in

**जायरात क्रमांक . 10 वर्स 2025**

**10.10. 2025 दिसा प्रकाशीत**

सकयल दिल्ल्यां पदां खातीर ऑनलायन अर्ज मागयतात.

**प्रतिनियुक्तीचेर बदली केल्लीं पदां सोडून हेर सगळया पदां खातीर अर्ज भरपाची निमाणी तारीख 24.10. 2025 आसा.**

**फकत प्रतिनियुक्तीचेर बदली रुपान पदांचे अर्ज भरपाची निमाणी तारीख 24.11.2025 आसा.**

ऑनलायन अर्ज करपा खातीर आयोगाचें संकेतथळ https://gpsc.goa.gov.in वा गोंय सरकारचें पोर्टल https://cbes.goa.gov.in. चेर पळोवचें.

ऑनलायन अर्ज भरचे पयलीं, उमेदवारांनी आयोगाच्या संकेतथळार उपलब्ध आशिल्ल्यो "सुचोवण्यो" जतनायेन वाचच्यो.

2. वेवसायीक महाविद्यालयां आनी भलायकी सेवा संचालनालयांत सल्लागार ह्या गट 'ए' पदां खातीर, कोंकणीचें गिन्यान आशिल्ले योग्य उमेदवार उपलब्ध नासल्यार, हेर तरेन योग्य आशिल्ल्या उमेदवारांची शिफारस गोंय लोक सेवा आयोग करूंक शकता आनी ही अट सदळ करप गरजेचें वा ताकतिकेचें अशें सरकाराचें मत आसल्यार, गोंय लोक सेवा आयोगाचे शिफारशीचेर सरकार ही अट सदळ करूंक शकता.

3. विहीत शिक्षणीक पात्रताय ही फकत किमान पात्रताय आसा आनी फकत ही पात्रताय आसली म्हूण उमेदवार मुलाखतीक आपोवपाक पात्र आसतलेच अशें ना. अर्जांची संख्या चड आसल्यार, **"सुचोवण्यांत"** नमूद केल्ल्या प्रमाणें आयोग मुलाखतीक आपोवंक उमेदवारांची लघू वळेरी तयार करतले.

**टीप:1)** अर्ज योग्य रितीन भरल्या उपरांत, उमेदवारांनी सकयल दिल्ल्या प्रमाणें, अर्ज शुल्क भरचें पडटलें.

**ए) ऑनलायन**

- ऑनलायन फारीकणी करची.
- यशस्वी स्थिती दाखोवपी ई- पावती डावनलोड करची.

**बी) ऑफलायन**

- ई- चलन निर्माण करचें.
- गोंयांत आशिल्ल्या खंयच्याय एसबीआय फांट्यांत फकत निमाणे तारखेक वा ताचें आदीं रोख फारीकणी करची (ई- चलनाची वैधताय ई-चलन निर्माण जाल्या उपरांत सात दीस मेरेन आसतली)
- ह्या ई- चलनाचेर बँकेचो शिक्को गरजेचो आसा.
- अर्ज सादर करपाचे निमाणे तारखेक वा ताचे आदीं आयोगाच्या कार्यालयांत शिक्को मारिल्लें ई- चलन सादर करूंक जाय.

2) फारीकणी यशस्वी जाल्या उपरांतूच उमेदवारांक आपलो अर्ज डावनलोड करूंक मेळटलो.

3) निमाणे तारखे उपरांत शुल्क फारीक केल्लो अर्ज, रोखडोच न्हयकारतले आनी हे फारीकणीचो परतावो जावचो ना.

4) अर्जांत उमेदवाराचो ईमेल नामो आनी मोबायल क्रमांक चुकय नासतना दिवंक जाय. आयोग उमेदवारांच्या अर्ज संबंदीत सगळे संपर्क ईमेल नाम्याचेर/मोबायल क्रमांकांतल्यान धाडटले. सगळ्या उमेदवारांक तांच्या अर्जा संबंदीत अद्यावत/ कळोवणी खातीर तांचीं ईमेल/खातीं/ मोबायल फोन/आयोगाचें संकेतथळ नेमान तपासपाचो सल्लो दितात.

**टिप: जायरातीचे अणकारींत आवृत्तींत इंग्लीश आवृत्ती परस खंयच्योय विसंगती दिसल्यो जाल्यार इंग्लीश प्रत प्रामाणीत मानतलें.**

## I.दक्षता संचालनालय

**सहाय्यक तंत्रिकी परिक्षक, प्रतिनियुक्तिचेर बदली वरवीं (AssistantTechnical Examiner, by Transfer on deputation) ----- 1 पद (अनारक्षीत)**

**वेतन श्रेणी टप्पो - वेतन मॅट्रिक्स टप्पो -7 प्रमाणें**

**शिक्षणीक आनी हेर पात्रताय:-**

**आवश्यक:** केंद्र /राज्य सरकार आनी केंद्र शासीत प्रदेश क्षेत्रांत अनुरूप श्रेणीतलीं पदां धारण केल्ले अधिकारी:

(a) (i) सहाय्यक अभियंतो वा तत्सम; वा

(ii) कनिश्ट अभियंतो वा तत्सम श्रेणींत 3 वर्सांची सेवा आशिल्लो; वा

(b) मान्यताय प्राप्त विद्यापिठांतल्यान नागरी अभियांत्रिकीची पदवी वा तत्सम आनी प्राध्यान्यान संशोधन संस्थेंत काम करपाचो अणभव आसूंक जाय. (प्रतिनियुक्तीचे कालावधी सयत तेच संघटणेंत/खात्यांत हे नेमणुके आदीं आशिल्ल्या दुसऱ्या आदल्या कॅडराच्या पदाचेर प्रतिनियुक्तीचो कालावधी 3 वर्सां परस चड आसूंक जायना.

## II.कार्मिक खातें

**विधी खातें (कायदो वेव्हार ) LAW DEPARTMENT (LEGAL AFFAIRS)**

**अवर सचीव (कायदो), प्रतिनियुक्तीचेर बदली वरवीं Under Secretary (Law) by Transfer on Deputation … 1 पद (अनारक्षीत)**

**वेतन श्रेणी:** सुदारीत वेतन मॅट्रिक्स टप्पो 10 प्रमाणें

**शिक्षणीक आनी हेर पात्रताय:-**

**आवश्यक –** केंद्र /राज्य सरकार/ केंद्र शासीत प्रदेशा अंतर्गत आशिल्ले अधिकारी: (a) (i) नेमान अनुरूप पद धारण करपी वा (ii) वेतन 5500 – 175 – 9000 (पूर्व- सुदारीत ) वा तत्सम ह्या प्रमाणान पदाचेर 5 वर्सां नेमान सेवा केल्ली आसूंक जाय. आनी

b) थेट भरती खातीर थारायिल्ली शिक्षणीक पात्रताय आनी अणभव आसप म्हणल्यार

(i) मान्यताय प्राप्त विद्यापिठांतल्यान कायद्याची पदवी वा तत्सम.

(ii) केंद्र/ राज्य सरकार खातें वा केंद्र शासीत प्रदेशाच्या प्रशासकीय वेव्हारांत 7 वर्सांचो अणभव.

वा

(ii) वकील वा प्लीडर आशिल्लो आनी 4 वर्सांच्या काळा खातीर अशे तरेन काम केल्लो पात्र कायदो वेवसायीक आसूंक जाय.

टीप:(फीडर श्रेणींतले विभागीय अधिकारी जे थेट पदोन्नतीच्या पंगडांत आसात ते प्रतिनियुक्तीचे नेमणुके खातीर विचार करूंक पात्र थारचे नात. तशेंच प्रतिनियुक्तीवादी पदोन्नती खातीर विचार करूंक पात्र थारचे नात).(प्रतिनियुक्तीचो काळ सादारणपणान 3 वर्सां परस चड आसचो ना).

## III. गृह खातें (सामान्य)

बंदखणीचे निरिक्षकालय (INSPECTORATE OF PRISONS)

**वैजकी अधिकारी, प्रतिनियुक्तीचेर बदली वरवीं (Medical Officer) ...... 3 पदां (अनारक्षीत)**

**वेतन श्रेणी :** वेतन मॅट्रिक्स टप्पो 10 प्रमाणें

**शिक्षणीक आनी हेर पात्रताय :-**

**आवश्यक :-** भलायकी सेवा संचालनालय / गोंय वैजकी म्हाविद्यालया अंतर्गत अनुरूप पद धारण करपी अधिकारी

## IV.भौशीक भलायकी खातें

मानसोपचार आनी मनीस वागणूक संस्था (Institute of Psychiatry and Human Behavior)

**मानसोपचारांत व्याख्यातो (Lecturer in Psychiatry) ..... 2 पदां (1- अनारक्षीत, 1 पद हेर मागास वर्गियां खातीर)**

**वेतन श्रेणी:** सुदारीत वेतन मॅट्रिक्स टप्पो 11 प्रमाणें) **पिराय- 45 वर्सां परस चड आसूंक जायना.**

**शिक्षणीक आनी हेर पात्रताय:-**

**आवश्यक** : (i)भारतीय वैजकी मंडळ कायदो,1956 (1956 चो कायदो क्र. 102) चे पयले वा दुसरे वळेरींत वा तिसरे वळेरीच्या भाग II (सनद पात्रताय सोडून) हातूंत आसपावीत केल्ल्या प्रमाणें मान्यताय प्राप्त वैजकी पात्रताय. तिसऱ्या परिशिश्टाच्या भाग II प्रमाणें शिक्षणीक पात्रताय आशिल्ल्यांनी भारतीय वैजकी मंडळ कायदो, 1956 (1956 चो कायदो क्र. 102) च्या कलम 13 पोट-कलम (3) त दिल्ल्यो अटी पुराय करूंक जाय.(ii) राष्ट्रीय वैजकी आयोग (आदलें भारतीय वैजकी मंडळ) मान्यताय प्राप्त वैजकी महाविद्यालय / संस्थे कडल्यान संबंदीत खासा विशेशतायेंत वा तत्सम हातूंतल्यान पदव्युत्तर पदवी. (iii) आवश्यक पदव्युत्तर पदवी उपरांत मान्यताय प्राप्त वैजकी महाविद्यालय/ शिक्षणीक संस्था आसा, तातूंत वरिश्ठ निवासी / निबंधक / अनुशिक्षक (Tutor)/ निदर्शक म्हूण संबंदीत विशेशतायेंत तीन वर्सां शिकोवपाचो अणभव आसूंक जाय. (iv) कोंकणीचें गिन्यान आसूंक जाय.

**ऐच्छिक** :– मराठीचें गिन्यान.

## <u>V. तंत्रिकी शिक्षण संचालनालय</u>

### <u>गोंय फार्मासी म्हाविद्यालय</u>

वखदांशास्त्रांत सहाय्यक प्राध्यापक (Assistant Professor in Pharmaceutics)

… 1 पद (अनारक्षीत)

**वेतन श्रेणी** : वेतन मॅट्रिक्स टप्पो 10 प्रमाणें पिराय- 45 वर्सां परस चड आसूंक जायना.

**शिक्षणीक आनी हेर पात्रताय:-**

**आवश्यक** : (i) फार्मासी विशयांत पदवीधर आनी फार्मासी विशयांत संबंदीत विशेशज्ञतायेंत पदव्युत्तर पदवी, जंय दोनूय पदवी मदले खंयचेय एकेंत, उण्यांत पयली श्रेणी वा तत्सम आसूंक जाय. (iv) कोंकणीचें गिन्यान आसूंक जाय.

**ऐच्छिक** :– मराठीचें गिन्यान.